**Panaji Regional 30th January 2025 7.25am**

## MORN. GOVT-ALL PARTY MEETING

संसदेच्या अर्थसंकल्पीय अधिवेशनाच्या आदीं सरकारान आयज नवी दिल्लींत सर्वपक्षीय बसका आपयल्या.हे बसकेंत सगल्या पक्षांच्या नामनेच्या फुडाऱ्यां कडेन चर्चा करतलें आनी अधिवेशन सुचारूपणान चलचें हे खातीर पक्षांचो सहकार मागतले.

31 जानेवारीक संसदेच्या दोनूय सभाघरांच्या संयुक्त बसकेंत राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांच्या अभिभाषणांत अर्थसंकल्पीय अधिवेशन सुरू जातलें. त्याच दिसा राष्ट्रपतीच्या अभिभाषणा उपरांत थोड्याच काळा खातीर लोकसभा आनी राज्यसभा दोनूय एकठांय जातली तेन्ना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारमण अर्थीक सर्वेक्षण मांडटल्यो. अर्थमंत्री शेनवारा केंद्रीय अर्थसंकल्प-2025-26 सादर करतल्यो.

### Sci Film Festival

विद्यार्थ्यांच्यो सहली अभ्यासाच्या स्वरूपान गोंयात विज्ञानीक मळार काम करपी संस्थानी जावपाक जाय ,हांतुल्यान विद्यार्थ्यामदी विज्ञानाची गोडी तयार जातली तशेंच विज्ञान मळार एक नवी पीढी तयार जातली अशे मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी म्हणला.ते विज्ञान परीशदेच्या गोंय फाट्यान आयोजित केल्ल्या10 व्या विज्ञान महोत्सवाच्या उक्तावण सुवाळ्याक मुखेल सोयरे म्हण उलयताले.
विज्ञान आनी तंत्रगीन्यानाचो आताचो काळ आसा.ताका लागुन विज्ञान मळार खुपश्यो संद्यो विद्यार्थ्यांक तांचो फुडार घडोवपाच्या नदरेतल्यान आसा अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

ह्यावेळार विज्ञान परीशदेचे आयोजक तशेंच विद्यार्थी ,विज्ञान शिकोवपी शिक्षक हाजीर आशील्ले.हो महोत्सव 1फेब्रेर मेरेन पणजी गोय मनरीजवण संस्थेत चलतलो.

Bharat Natyarang CM

राश्टीय नाट्य विद्यालयाचो फाटो गोयात सुरू करपाक सरकार यत्ज्ञ करतले ,सुरवेक साखळे असो विभाग सुरू करपाक यत्ज्ञ करतलो अशे आस्वासन मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी 25 व्या भारत रंग नाट्य महोत्सवावेळार नाट्य रसिकांक दीला.

कोंकणी भाशेतली नाटका लेगीत भारत रंग नाट्य महोत्सवात येवपाक जाय,आमच्या कोंकणी भाशेतल्या नाटकांनी तशेंच तियात्रांनी संसारीक मळार नाव जोडला अशे मुखेलमंत्र्यान म्हणला.

नाटक हे संस्कृतीचे रक्षण करपी कला.तशेंच समाज बोधन करपी कला आसा अशे ह्यावेळार राश्टीय नाट्य विद्यालयाचे संचालक चित्ररंजन त्रीपाठी हांणी म्हणलां.

ह्यावेळार विद्यालयाचे उप संचालक भारत गुप्ता,तशेच कला आनी संंस्कृती खात्याचे सचीव सुनील अंचीपका,कला आनी संस्कृती खात्याचे संचालक सगुण वेळीप हाजीर आशील्ले.

महोत्सवाच्या उक्तावणा उपरिंत नागमंडल ह्या गीरीश कर्नाड हांणी बरयल्ल्या नाटकाचो प्रयोग जालो.महोत्सवाक नाट्य रसीकांचो उपाट प्रतीसाद मेळ्ळो.

29जानेर ते 16 फेब्रुवारी मेरेन पणजे कला अकादमीच्या मास्टर दिनानाथ मंगेशकर सभाघरात ह्या महोत्सवाचे आयोजन केला.

**Rashmi**

आदीवासी समाजातल्या विद्यार्थ्यांक शिक्षण मळार तेको दीवपी मुख्यमंत्री शिक्षा सहाय्य येवजण चालीक लावपाक काल  मंत्रीमंडळाच्या बसकूत मंजुरी दील्या अशी म्हायती मुखेल मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी दील्या.ते मंत्रीमंडळाच्या बसकेउपरांत पर्वरे मंत्रालयात घेतील्ल्या पत्रकार परीशदेत उलयताले. ह्या निर्णयाशिविय महसुल खात्याची 4 हजार चौखण मीटर जागा भलायकी खात्याक मुळावे भलायकी केंद्र बांधपाक दील्या अशीय म्हायती मुखेल  मंत्र्यांन ह्यावेळार दील्या.तशेंच कीर्लपाल दाबाळ हांगच्या श्री सातेरी देवस्थानाचे नुतनीकरण आनी सोबीतीकरणाच्या कामाक आयच्या मंत्रीमंडळात मंजुरी दील्या. ह्या निर्णयासयत

कंत्राटी पद्धतीचेर नोकरभरती, कांय सरकारी प्रकल्पाच्या कामांक मंजुरी दिवपाचोय निर्णय काल जाला.

**DIP**

मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत करपी वेगवेगळ्या कार्यावळीक दिव्यांक व्यक्तिंक हजर रावपाक सोयिस्कर जावचें म्हूण संस्थेन व्हिलचेर सुविधा उपलब्ध केल्या. व्हिलचेर सुविधा उपलब्ध केल्ल्यान दिव्यांग व्यक्तिंक इमारतीच्या सोपणा वयल्यान पयल्या माळ्यार सुरक्षीत आनी सोपेपणी वचपाक मेळटले. मिनेझिस ब्रागांझा संस्थेच्या सभाघरांत आयोजीत करपी कार्यावळीक उपस्थित रावपाक कोणाकच अडचण येवची न्हय आनी दिव्यांग व्यक्तिं हक्क कायद्याच्या तजवीजीची अंमलबजावणीच्या उद्देशान व्हिलचेर सुविधा उपलब्ध केल्या. संस्थेचे अध्यक्ष दशरथ परब हांणी व्हिलचेर सुविधेचे उक्तावण केले. संस्थेचे वांगडी सचीव अशोक परब हेय ह्या वेळार उपस्थित आशिल्लें.

**Subhash**

गोवा मराठी अकादमी आनी रविंद्र भवन साखळी हांणी जोडपालवान घडोवन हाडिल्लो 'सृजनसंगम २०२५ ' ह्या युवा महोत्सवाची कार्यावळ जाहीर जाल्या. २५ फेब्रुवारीक जावपी ह्या युवा महोत्सवात वांटेकार जावंचे खातीर उच्च माध्यमिक विद्यालयांनी आनी महाविद्यालयांनी आपले पंगड तयार दवरचे अशें आवाहन गोवा मराठी अकादमीन केलां.